**बांधकाम कामगारांक अर्थीक मजत अनुदानाचें वितरण.**

**पणजी, 4 जून 2020.**

नोंदणीकृत बांधकाम कामगारांक 6000/- रुपयांची अर्थीक मजत अनुदान दिवपा खातीर घेतलेल्या निर्णयाच्या आधारार कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान डीबीटी मार्फत लाभार्थ्यांच्या खात्यांत पैशे धाडल्यात अशें कळीत केलां.

लाभार्थ्यांची नोंदणी बीओसीडब्ल्यूबी अंतर्गत ताणी दिल्ल्या स्व-घोशणा पत्राच्या आधारार केल्ली.

केंद्र सरकारान इमारत आनी हेर बांधकाम कामगार कायदो1996 च्या यु/एस 60 खाला सगळ्या बांधकाम कामगारांक बांधकाम निधी मंडळा कडल्यान बेगोबेग मजत दिवपा खातीर राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेश सरकारांक निर्देश जारी केल्यात.

9393 लाभार्थ्यांक प्रत्येकाक 6000/- रुपयां ह्या प्रमाण 5,63,58,000/- रुपयंचो निधी तांच्या खात्यांत हस्तांतरीत केल्लो,तांतुतल्या 2105 लाभार्थ्यांचो निधी तांणी दिल्या खात्यांच्या अर्धवट माहितेक लागून परत आयलो.

7288 लाभार्थ्यां खातीर 4,37,28,000/- रुपये तांच्या खाच्यांत जमा केल्यात.खंयच्याय लाभार्थ्यांक 6000/- रुरयां परस चड पैशे प्राप्त जाले ना.

DI/NB/JA/SAG/2020/58

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA